**उदकास्त्रोत मंत्री शिरोडकर हांणी जनता दरबारात लोकांच्यो समस्यां आयकून घेतल्यों**

ता. 4 सप्टेंबर 2023

उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान आयज दिवचल तालुक्याखातीर रवींद्र भवन, साखळी हांगा आयोजीत केल्ल्या जनता दरबारात उदकास्त्रोत मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर हांणी थळाव्यां लोकांच्यो कागाळीं आयकून घेतल्यो आनी संबंदीत अधिकाऱ्यांक लोकांच्यो समस्यां सोडोवपाक सांगलें

श्री शिरोडकर हांणी सरकारी कारभारात पारदर्शकता आनी तत्परता म्हत्त्वाची आशिल्ल्याचें सांगून सरकारी खात्यांनी कामाचे रिपोर्ट कार्ड दवरपाची गरज व्यक्त केली, जेणे करून प्रलंबित विकास कामां बेगीनात बेगीन पुर्ण करप शक्य जातले, अशें तांणी सांगलें.

दिवतल तालुक्यात कृशी क्षेत्रात विकास जावपाची गरज आशिल्ल्याचें सांगून श्री शिरोडकर हांणी त्या खातीर संबंदीत खात्यांच्या अधिकाऱ्यांची खास बसका घेवपात येतली, अशी म्हायती दिली.

आमदार डॉ.चंद्रकांत शेट्ये हांणी संबंदीत अधिकाऱ्यांक लोकांच्या समस्यांकडेन बेगीन लक्ष दिवन लोकांक थाकाय दिवपाक सांगलें.

मयेचे आमदार श्री प्रेमेंद्र शेट हांणीय लोकांच्या समस्यांचे निवारण करपाक अधिकाऱ्यांक सांगलें.

ह्या वेळार उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती डॉ. मामू हागे, पुलीस अधीक्षक श्री निधिन वालसन, साखळी नगराध्यक्ष श्रीमती. रश्मी देसाई, दिवचलचे नगराध्यक्ष कुंदन फळारी, जिल्हा पंचायत वांगडी श्री गोपाळ सुर्लीकर, श्री प्रदीप रेवोडकर, महेश सावंत आनी अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/696

--

-----------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.